Panaji 29th March 2025 8.40am

- केंद्र सरकार बिहाराचे सर्वांगीण विकासा खातीर कटिबद्ध आसा अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां.

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज नवी दिल्लीत राष्ट्रीय पर्यावरण परिषद - २०२५ चे उक्ता वण करतल्यो.

- संरक्षण मंत्रालयान हिंदुस्तान एरोनॉटिक्स लिमिटेड (एचएएल) कंपनी कडेन 156 लाइट Combat हेलिकॉप्टर प्रचंड ची पुरवण करपा खातीर दोन करार केल्यात.

- भारतान भूंयकांप जाल्ल्या म्यानमाराक सुमार 15 टन मदत सामुग्री धाडल्या.

- आयपीएल क्रिकेटांत काल जाल्ल्या खेळांत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून चेन्नय सुपर किंग्साक 50 धांवड्यांनी हारयलो. आयज गुजरात टायटन्स आनी मुंबय इंडियन्स हांचे मदीं खेळ जातलो.

Cabinet – 180

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी बिहारांतल्या कोसी मेची इंट्रा-स्टेट लिंक प्रकल्पाक पीएमकेएसवाय-एआयबीपी खाला आसपावीत करपाच्या आनी फोर लेन पाटना-सासाराम कॉरिडोराक मान्यताय दिवपाच्या मंत्रीमंडळाच्या निर्णयाची तोखणाय केल्या. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी सांगलें, केंद्र सरकार बिहाराचे सर्वांगीण विकासा खातीर कटिबद्ध आसा.

देशांत इलॅक्ट्रॉनिक्स वस्तूंच्या उत्पादनाक चालना दिवपा खातीरआनी इलॅक्ट्रॉनिक्स पुरवण साखळी घटमूट करपा खातीर सरकारान

रान इलॅक्ट्रॉनिक्स उपकरणां उत्पादन येवजणेक मान्यताय दिल्या. काल नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें,

फाटल्या धा वर्सांत इलॅक्ट्रॉनिक्स क्षेत्रांत व्हड प्रमाणांत वाड जाल्या. फाटल्या धा वर्सांत इलॅक्ट्रॉनिक्स उत्पादनाक लागून देशांत 25 लाख नोकऱ्यो निर्माण जाल्यात अशें तांणी सांगलें. इलेक्ट्रॉनिक्स उपकरण निर्मिती येवजणे खातीर 22 हजार कोटी रुपयां परस चड अर्थीक मजत दितले अशें केंद्रीय मंत्र्यांनी सांगलें. हाका लागून 91 हजारां परस चड प्रत्यक्ष रोजगार आनी अप्रत्यक्ष रोजगाराच्यो जायत्यो संदी निर्माण जातल्यो अशें तांणी मुखार सांगलें.

सरकारान केंद्र सरकाराच्या कर्मचाऱ्यांक दोन टक्के डियरनेस भत्तो आनी पेन्शनरांक डियरनेस रिलीफ दिवपाक मान्यताय दिल्या अशें वैष्णव हांणी सांगलें. अंदू 1 जानेवारी सावन हे लागू जातले अशें तांणी सांगलें. हाचो फायदो केंद्र सरकाराच्या 48 लाख 66 हजार कर्मचाऱ्यांक आनी 66 लाख 55 हजार पेन्शनरांक जातलो.

**PRESIDENT-NGT CONFERENCE** - 80

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज नवी दिल्लीत राष्ट्रीय पर्यावरण परिषद - २०२५ चे उक्तावण करतल्यो. ही परिषद राष्ट्रीय हरित न्यायाधिकरण -
NGT न घडोवन हाडल्या. दोन दिसांच्या परिशदेंत पर्यावरण तज्ञ, धोरण निर्माते आनी कार्यकर्त्यांक पर्यावरणाच्या म्हत्वाच्या प्रस्नांचेर चर्चा करपाची संद मेळटली.हवामान बदल, प्रदुशण नियंत्रण, जैवविविधताय संवर्धन आनी शाश्वत उदरगत अशा आव्हानां विशीं चर्चा करपा खातीर परिशदेंत चार मुखेल तंत्रीक सत्रां आसतलीं. भारतांत आनी संवसारीक पांवड्यार पर्यावरणीय टिकावूपणाक चालना दिवपा खातीर वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्यान अर्थपूर्ण संवाद आनी सहकार्याक चालना दिवपाचो हे सत्रांचो हेत आसा.

PM – 65

"इंडिया फर्स्ट" हो देशाच्या परराश्ट्र धोरणांचो मुळ मंत्र जाला अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.        प्रधानमंत्रि मोदी काल नवी दिल्लींत खाजगी टीव्ही चॅनलान आयोजीत केल्ल्या कार्यावळीत उलयताले. पयलीं भारताचें परराश्ट्र धोरण सगळ्यां पासून अंतर दवरपाचें आशिल्लें पूण आतां तें सगळ्यां बरोबर एकठांय काम करपाचें आसा अशें तांणी सांगलें.

**PM - MAHA, CG - 85**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्या महाराष्ट्र आनी छत्तीसगडाक भेट दितले. महाराष्ट्र भोंवडे वेळार प्रधानमंत्री नागपूराक वचून स्मृती मंदिरांत दर्शन घेतले आनी ते उपरांत दीक्षाभूमिक भेट दितले. उपरांत नागपूरात माधव नेत्रालय प्रीमियम केंद्राचो बुन्याद घालतले आनी भौशीक बसकेंत उलोवप करतले. तशेंच शारांतल्या सोलर डिफेन्स अँड एरोस्पेस लिमिटेड हांगा UAV खातीर लॉइटरिंग युद्धपयोगी सामग्री चाचणी तळ आणि धावपट्टी सुविधेचे उक्तावण मोदी करतले. महाराष्ट्र भेटी उपरांत प्रधानमंत्री छत्तीसगडांतल्या बिलासपूराक वचून 33 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाचे जायत्या विकास प्रकल्पांचे लोकार्पण करतले. तशेंच मोदी थंय भौशीक बसकेंत उलोवपाचे आसात.

Rijiju – 40

केंद्रीय अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू प्रधानमंत्री विरासत का संवर्धन (पीएम विकास) येवजणे खाला आज एक व्हड कुशळटाय विकास कार्यावळ सुरू करतले.
29,600 उमेदवारांक कुशळटाय प्रशिक्षण आनी 2 हजार उमेदवारांक शिक्षणीक मजत दिवन 31,600 उमेदवारांक सशक्त करपाचो हेतू आसा.

Delhi HC – 60

दिल्ली उच्च न्यायालयान एका निर्णयात म्हळां की रेस्टॉरंट्स अन्न बिलांचेर अनिवार्य सेवा शुल्क आकारू शक नात, जाका लागून ते गिरायका खातीर ऐच्छिक जातले. न्यायमूर्ती प्रतिभा एम सिंह हाणी फेडरेशन ऑफ हॉटेल्स अँड रेस्टॉरंट असोसिएशन ऑफ इंडिया आणि नॅशनल रेस्टॉरंट असोसिएशन ऑफ इंडिया हाणी दाखल केलल्यो याचिका भायर मारल्यो. हातूंत, केंद्रीय ग्राहक संरक्षण प्राधिकरणाच्या मार्गदर्शक तत्त्वांक आव्हान दिलले, जातुन अशा शुल्कांचेर बंदी घाल्ली.

**BIHAR AMIT SHAH - 110**

केंद्रीय गृहमंत्री आनी भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी अमित शाह आयज बिहाराक भेट दितले. दोन दिसांच्या राज्य भेटी वेळार शाह गोपाळगंजांतली भौशीक बसका आनी पाटणांत राज्य पांवड्यावेल्या सहकारी परिशदे सयत जायत्या कार्यावळींक हाजीर रावपाचे आसात. शाह आयज सांजवेळा लोकसभा आनी राज्यसभा खासदार, आमदार, एमएलसी आनी हेर वेंचून आयिल्ले प्रतिनिधी सयत पक्ष फुडाऱ्यां कडेन बसका घेतले. तशेंच गृहमंत्री भाजपाचे राज्य कोर समिती कडेन बसका घेतले. फाल्यां शाह पाटनांत राज्य पांवड्यावेल्या सहकारी परिशदेचें उक्तावण करतले. तशेंच 800 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या वेगवेगळ्या उदरगत कार्यक्रमांचे आनी प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले. या कार्यक्रमात सहकारी समुदायाचे सात हजारां परस चड प्रतिनिधी वांटो घेतले. हाचे उपरांत शाह गोपाळगंजांत भौशीक बसकेंत उलोवप करतले.

Def – 100

संरक्षण मंत्रालयान हिंदुस्तान एरोनॉटिक्स लिमिटेड (एचएएल) कंपनी कडेन 156 लाइट Co mbat हेलिकॉप्टर प्रचंड ची पुरवण करपा खातीर दोन करार केल्यात. हातूंत प्रशिक्षण आनी हेर संबंदीत उपकरणांचो आस्पाव जाता. ह्या कंत्राटांचें मोल 62 हजार 700 कोटी रुपया आ सा. पयल्या कंत्राटा वरवीं भारतीय वायुसेनेक 66 लाइट Combat हेलिकॉप्टरांची पुरवण जा तली आनी दुसऱ्या कंत्राटा वरवीं भारतीय लश्कराक 90 लाइट Combat हेलिकॉप्टरांची पुरव ण जातली. ह्या कंत्राटां वरवीं सशस्त्र दळांची उंचायेचेर आशिल्ल्या वाठारांनी झुजपाची तांक वाडटली अशें मंत्रालयान सांगलां.

लाईट कॉम्बॅट हेलिकॉप्टर हे भारताचें पयलें स्वदेशी डिझाइन केलेले आणि विकसित केलेले लढाऊ हेलिकॉप्टर, पांच हजार मीटरांपरस चड उंचायेचेर उडपाची तांक आशिल्ले आसा.

**REV. INDIAN AID-MYANMAR - 130**

भारतान भूंयकांप जाल्ल्या म्यानमाराक सुमार 15 टन मदत सामुग्री धाडल्या. सूत्रांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण हिंडन एअर फोर्स स्टेशन वेल्यान भारतीय हवाई दलाच्या C-130J विमानान ही मदत पावयल्या. मदत साहित्यात तंबू, स्लीपिंग बॅग, ब्लँकेट, अन्न

आणि जनरेटर सेट हांचो आस्पाव आसा. आपत्तीग्रस्तांच्या मदती खातीर पॅरासिटामॉल, अँटीबायोटिक्स, सिरिंज, हातमोजे आणि बँडेज यांसारखे वैद्यकीय साहित्य धाडला.

काल म्यानमार आनी शेजारच्या थायलंडांत शक्तिशाली भूंयकांप जावन इमारती, पूल आनी एक मठ उध्वस्त जालो. म्यानमारांत उण्यांत उणे 144 जाणांक मरण आयलें. थायलंडाची राजधानी बँकॉकांत उण्यांत उणे 10 जाणांक मरण आयलें, थंय बांदकामा चालू आशिल्ली उंच इमारत कोसळ्ळी. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी हे घडणुके विशीं हुस्को उक्तायला. मिडिया ब्रिफींग वेळार हे घडणुके विशीं विचारिल्ल्या प्रस्नाक जाप दितना परराश्ट्र सचीव विक्रम मिश्री हांणी सांगलें, ते म्यानमारांतल्या अधिकाऱ्यां कडेन संपर्कांत आसात आणि मदत साहित्याच्या बाबतीत नेमकी गरज कितें आसा ते पळयतात.

IMD – 50

भारतीय हवामान खात्यान आयज उप-हिमालयी अस्तंत बंगाल, सिक्किम, गोंय आनी महाराष्ट्रांतल्या कांय सुवातींनी गडगड आनी जोगला मारून हलको ते मध्यम पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण आयज वायव्य भारतांतल्या काय सुवातींनी खर वारें मारपाची खूब शक्यताय आसा, राजस्थानांत व्हड प्रमाणांत धुल्लाचे वादळ येतले असो अदमास उक्तायला.

IPL – 70

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं चेन्नयच्या एमए चिदंबरम स्टेडियमांत जाल्ल्या खेळांत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून चेन्नय सुपर किंग्साक 50 धांवड्यांनी हारयलो. पयली फलंदाजी करपीरॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरून निर्धारीत 20 ओव्हरींनी 7 विकेटी व्हगडावन 196 धांवड्यो केल्यो. चेन्नय सुपर किंग्सान निर्धारित 20 ओव्हरींनी 8 विकेटीं व्हगडावन फक्त 146 धांवड्यो करप शक्य जालें.

आयज अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर गुजरात टायटन्स आनी मुंबय इंडियन्स हांचे मदीं खेळ जातलो. आयज सांजवेळा 7:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.